# मुख्यमंत्री, भलायकी मंत्र्यान राज्यपालाक राज्यांतल्या कोवीड-19 परिस्थितीची म्हायती दिली

ता. 16 जुलय 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे, मुख्य सचीव श्री, परिमल राय आनी भलायकी सचीवान आयज गोंयचे राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांची भेट घेवन राज्यपालाक गोंय राज्यांतल्या सध्याच्या कोवीड-19 परिस्थितीविशीं म्हायती करून दिली. राज्यपालाक चांचण्यांचे प्रमाण, दुयेंतीचें बरे जावपाचे प्रमाण, पॉझिटिव्ह दुयेंतीचो आंकडो आनी कोरोना दुयेंसाक लागून मरण आयिल्ल्यां दुयेंतींच्या आकड्यांची म्हयती दिली.

तशेंच राज्यपालाक कोवीड हॉस्पिटलातली सुविधा, कोवीड कॅअर सेंटरांतल्यो सुविधां, थंयचे वेवस्थापन, दुयेंतीक दिवपात येवपी जेवण, नितळसाण आनी हेर सुविधांविशींय म्हायती दिली. राज्यांतले आळाबंद वाठार, आळाबंद वाठारांतल्या लोकांक दिवपात येवपी खाणाजेवणाचे सामान आनी हेर सुविधांचीय म्हायती दिली.

तशेंच भलायकी खात्यान स्थापन केल्ल्यो चांचणी सुविधां, आयसीएमआरान शिफारस केल्ली वखदांची उपलब्धता आनी प्लाझ्मा बँक आनी प्लाझ्मा उपचारांखातीर सुरू केल्ल्या तयारीचीय म्हायती राज्यपालाक दिली.

मुख्य सचीवान राज्यपालाक राज्य आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणेच्या राज्य कार्यकारी समीतीच्या कामाची म्हायती करून दिली.

भलायकी मंत्र्यान राज्यांत कोवीड-19 महामारीची परिस्थिती हाताळपा खातीर भलायकी खात्यान केल्ल्या उपाय योजनांची आनी साधनसुविधांची म्हायती करून दिली.

मुख्यमंत्र्यान आर्थिक परिस्थिती सुधारपा खातीर राज्य सरकारान सुरू केल्ल्या उपाययोजनांची म्हायती दिली.

राज्यपालान सरकारान कोवीड-19 परिस्थिती हाताळपा खातीर केल्ल्या प्रयत्नांची तोखणाय करून राज्यांत कोवीड-19 परिस्थिती हाताळपा खातीर केल्ल्या उपायांची कडक अंमलबजावणी करपाची आनी लोकांमदी सोशल डिस्टन्सिंग, मास्क वापरप, सॅनिटायझर वापरप अशां सुरक्षा उपायविशीं जागृताय करपाची गरज उक्तायली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/396

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA